# शैक्षणिक साधनसुविधांच्या विकासाक सरकारचे प्राधान्य-मुख्यमंत्री

ता.22 डिसेंबर 2017
1 पौष 1939

सरकारान राज्यात शैक्षणिक साधनसुविधांच्या विकासाक प्राधान्य दिल्ले आसून त्याखातीर अर्थसंकल्पात खास तजवीज केल्ली आसा, अशें मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी मोन्त-द-गिरीच्या सेंट अँथनी हायस्कुलच्या रूप्या महोत्सवी वर्स समारोप आनी खेळां उत्सवाच्या कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगलें.

उपसभापती श्री. मायकल लोबो कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे म्हुण जाल्यार गृहबांदणी मंत्री श्री. जयेश साळगांवकर खास आमंत्रीत म्हुण हजर आशिल्लें.

फुडें उलयताना श्री. पर्रीकर हांणी शैक्षणिक उदरगतीखातीर सेंट ॲथनी हायस्कुलचे वेवस्थापन, शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या प्रयत्नांची प्रशंसा केली.

उपसभापती श्री. मायकल लोबो आनी गृहबांदणी मंत्री श्री. जयेश साळगांवकर हांचेय ह्यावेळार उलवप जाले.

ह्यावेळार मानेस्तांच्या हस्तूकी विंगड विंगड सर्तीतल्या जैतवंत विद्यार्थ्यांक इनामां भेटयली. उपरांत विद्यार्थ्यांनी रंगारंग सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर केलो.

मुख्याध्यापक फा. एस. रोमियो फर्नांडिस, सेंट अँथनी चॅपलाचे फा. वाल्देम रॉड्रिगस, शिक्षक आनी पालक कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.